## 17 ते 19 जानेवारी मेरेन आंतरराष्ट्रीय लघु चित्रपट महोत्सवाचें आयोजन

ता. 16 जानेवारी 2025

म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान श्रीमुद्रा हांच्या सहकार्यान 17 ते 19 जानेवारी 2025 मेरेन गोंय करमणूक संस्था, पणजी हांगा WAVES-आंतरराष्ट्रीय लघु चित्रपट महोत्सव 2025 चे आयोजन केला.

ह्या वर्सा महोत्सवा खातीर जगभरांतल्यान 214 प्रवेशीकां आयिल्ल्यो, तातूंतल्यान तीन दिसांच्या महोत्सवात प्रदर्शीत करपा खातीर 93 फिल्मांची निवड केल्या. हो महोत्सव नवीन तशेंच वेवसायिक फिल्म निर्मात्यांक कौशल्य दाखोवपाक माची उपलब्ध करता.

महोत्सवात उत्कृश्ट फिल्मांक आनी निर्मात्यांक पुरस्कार भेटोवपात येता. फकत नावनोंदणी प्रक्रिया पुर्ण केले उपरांत महोत्सवा खातीर प्रवेश फुकट आसतलो. महोत्सवातल्या फिल्म प्रदर्शाचे वेळापत्रक आनी चड म्हायती खातीर www.wavesgoa.in चेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/60

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.